खण वेवसाय प्रभावीत वाठारांखातीर विकास येवजण्यो आनी उपक्रमांक मंजुरी

ता. 14 ऑक्टोबर 2026

उत्तर गोंय जिल्होधिकाऱ्याच्या अध्यक्षतेखाला हालीच जाल्ल्या उत्तर गोंय जिल्हो मिनरल फांवडेशन ट्रस्टाच्या नियामक मंडळाच्या बसकेत उत्तर गोंयांतल्या खण वेवसाय प्रभावीत वाठारांखातीर विविध विकास येवजण्यो आनी उपक्रमांक मंजुरी दिली. खण वेवसाय प्रभावीत वाठारांत शिक्षण, भलायकी सेवा, नितळसाण, शेती, नवीकरणीय ऊर्जा, उपजीविका आनी लोककल्याणाच्या मळार उदरगत करपा हो ह्या येवजण्यांचो आनी उपक्रमांचो उद्देश आसा.

मंजूर केल्ले मुखेल उपक्रम अशें आसात- नवीकरणीय ऊर्जा: खण वेवसाय बादित कुटुंबांक पाख्यावयले सौर पॅनेल बसोवपाक मजत दिवपा खातीर पीएम सूर्य घर: फुकट वीज येवजणेखाला 1.50 कोटी रूपया मंजूर केल्यात. ह्या येवजणेक लागून सुमार 500 कुटुंबांक फायदो जातलो, जांकां प्रति किलोवॅट 10,000/- रूपयां आनी चडांत चड 30,000/- रूपया मजत दिवपात येतली.

खण वेवसाय प्रभावीत वाठारांतल्या पात्र कृषीकार्ड धारकांखातीर 1 कोटी रूपयांच्या अतिरिक्त अनुदान येवजणेक मंजुरी दिल्या. ह्या येवजणे खाला शेतकाराक चडांत चड 20,000/- रूपया मेरेन मजत दिवपात येतली.

मंडळान सांखळी नगर पालिकेक सुक्या कोयराच्या वेवस्थापना खातीर 750 चौ.मी. ची शेड बांदपाक 2.03 कोटी रूपया आनी 1 टीपीडी क्षमतेच्या निसर्गगृणा रॅपिड कंपोस्टरा खातीर 19 लाख रुपया मंजूर केल्यात. ह्या प्रकल्पा खाला लागीच्या खण वेवसाय प्रभावीत ग्रामपंचायतींनी निर्माण जावपी सुक्या कोयराचेर प्रक्रिया करतले.

खण वेवसाय प्रभावीत वाठारांतल्या पात्र मायनिंग इंजिनिअरिंगच्या विद्यार्थ्यांक गोंय इंजिनिअरिंग म्हाविद्यालयांत शिक्षण घेवपा खातीर 40 लाख रूपया, सांखळीच्या सरकारी म्हाविद्यालयाक जीपीएस ट्रॅकिंग आशिल्ली बस खरेदी करपाक 27 लाख रूपया, दिवचलच्या सरकारी पॉलिटेक्निकाच्या ड्रॉइंग हॉलाचे आयसीटी-सक्षम स्मार्ट क्लासरूम आनी डिजिटल लर्निंग सेंटराचे नूतनीकरण करपा खातीर 35.10 लाख रूपया मंजूर केल्यात.

मंडळान केशव सेवा साधना नारायण झांट्ये विशेश भुरग्यांच्या शाळेक वाहन खरेदी करपाक आनी ग्रंथालयाचे आधुनिकीकरण करपा खातीर 40 लाख रूपया, लोकविश्वास संस्थेक फिजिओथेरपी, ऑक्युपेशनल थेरपी आनी स्पीच थेरपीच्या उपकरणां खातीर अतिरिक्त1.35 लाख रुपयां मंजुर केल्यात

मंडळान दिवचलच्या सीएचसी तल्या ऑपरेशन थिएटर आनी निदान सुविधा खातीर 29.11 लाख रूपया, क्षयरोग चाचणी मशीन दवरपाक सुविधा

निर्माण करपाक 6.21 लाख रूपया मंजुर केल्यात. होंडा-सत्तरी हांगाच्या पशुवैजकीय हॉस्पिटलातल्यो सुविधां सुधारपा खातीर 20.62 लाख रूपया मंजूर केल्यात.
म्हा /सप/ / विगां/ 2026/644

--

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,
Government of Goa,
Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,
Panaji – Goa.